**<u>गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार जाहीर</u>**

ता. 13 नोव्हेंबर 2020

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयज गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार जाहीर केले. गोंय सरकार म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन बातमी आनी लेख ह्या प्रकारांत सात पुरस्कार दितात. रोख 10,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी यादस्तीक स्वरूपात हे पुरस्कार दिवपात येता.

राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो गटांत उत्कृश्ट संपादक पुरस्कार नवप्रभाचे संपादक श्री. परेश प्रभू हांका गांधीजी समजून घेऊया, ह्या संपादकीय बरपा खातीर फावो जाला. ग्रामीण पत्रकारीतेखातीर तरूण भारताचे पत्रकार श्री. महेश गांवकार हांका कबाड कश्टाचा पैसा जाला खोटा आनी देवाने दिले , मानवाने नेले ह्या लेखा खातीर पुरस्कार फावो जाला. भौशीक भलायकी आनी नितळसाण बरपा खातीर गोवन वार्ताचे पत्रकार श्री. प्रसाद शेट काणकोणकर हांका जनौषधी केंद्रांबाबत गोमंतकीय अनभिन्य ह्या बरपा खातीर पुरस्कार फावो जाला. बायला, भुरगीं आनी सामाजीक विशयावयल्या बातमी खातीर गोवन वार्ताचे पत्रकार श्री. सिध्दार्थ कांबळे हांका , खेळां पत्रकारीतेखातीर टाईम्स ऑफ इंडियाचे श्री. मार्कुस मर्गुलाव हांका, कला आनी संस्कृती पत्रकारीतेखातीर लोकमताचे पत्रकार श्री. गणेश शेटकर हांका, उत्कृश्ट छायाचित्रकार पुरस्कार टाईम्स ऑफ इंडियाचे श्री. राजतिलक नाईक हांका फावो जाला.

हे पुरस्कार राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस सुवाळ्यात 16 नोव्हेंबर 2020 दिसा भेटोवपात येतले.

श्री. संदेश प्रभुदेसाय, विली गोयस आनी जयंत संभाजी हे निवड समितीचे वांगडी आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/690

DI/NB/AP/JS/PN/2020/644
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA